**Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 18.04.24**

**मुखेल खबरो :**

**लोकसभा वेचणूकेच्या चौथ्या पावंड्याखातीर आयज अधिसूचोवणी जारी.**

**लोकसभा वेचणूकेच्या पयल्या पावंड्याखातीर १७ राज्या आनी चार केंद्र शासित प्रदेशातल्या १०२ मतदारसंघानी जातले मतदान.**

**दक्षिण काश्मीरच्या अनंतनाग जिल्हयातल्या बिजबेहारा वाठारात काल आतंकवाद्यानी बिहारातल्या एका नागरिकाची केली हत्या.**

**लोकसंख्या अहवालाप्रमाण भारत संवसारात पावलो पयल्या सुवातेर.**

**बार्सिलोना ओपन टेनिस सर्तीत राफेल नदाल हारील्ल्यान सर्तीतल्यान भायर.**

**आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल जाल्ल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक 6 गड्यांनी हारयले.**

**लोकसभा अधिसूचोवणी - ६०**

**लोकसभा वेचणूकेच्या चौथ्या पावंड्याखातीर आयज अधिसूचोवणी जारी केल्या. ह्या पावड्यार 13 मेक ९ राज्यां आनी एका केंद्रशासित प्रदेशातल्या 96 लोकसभेच्या सुवातांखातीर मतदान जातले. 25 एप्रिलमेरेन उमेदवारांक उमेदवारी अर्ज दाखल करपाक मेळटले.**

मजगती, लोकसभा वेचणूकेच्या तिसऱ्या पावंड्याखातीर उमेदवारी अर्ज दाखल करपाचो फाल्या निमणो दिस आसा. तिसऱ्या पावंड्यार १० राज्या आनी दोन केंद्रशासित प्रदेशांतल्या लोकसभेच्या ९४ सुवातांखातीर ७ मेक मतदान जातले.

वणुक 100

लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या पांवड्याखातीर काल सांजे प्रचार साँपलो. ह्या पांवड्या मतदान फाल्यां 17 राज्यांनी आनी चार केंद्र शासित प्रदेशांनी पातळिल्ल्या 102 मतदारसंघांनी जातलें.

हातुंत अरुणाचल प्रदेश, मेघालय, मिझोराम, नागालँड, सिक्किम, अंदमान आनी निकोबार जुवे, लक्षद्वीप, पुडुचेरी, उत्तराखंड आनी तमिळनाडूचो आसपाव आसा.

तशेंच राजस्थानांतल्या 12 जांग्यांचेर, उत्तर प्रदेशांतल्या आठ जाग्यांचेर, Happiint मध्य प्रदेशांतल्या स सुवातांचेर, आसाम आनी महाराष्ट्रांतल्या दरेकी पांच सुवातांचेर, बिहाराच्या चार सुवातांचेर, अस्तंत बंगालांतल्या तीन जाग्यांचेर, मणिपूरांतल्या दोन जाग्यांचेर आनी छत्तीसगड, त्रिपुरा आनी जम्मू-काश्मीरांत दरेकी एका सुवाते खातीर मतदान जातलें

लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या पांवड्यार एक हजार 625 उमेदवार वेचणूक रिंगनांत आसात.

लोकसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पांवड्या खातीर मतदान करपा वांगडाच फाल्यां अरुणाचल प्रदेश आनी सिक्किमांत विधानसभेखातीर मतदान जातलें.

**DARAT: AMIT SHAH 120**

**आजपाचे वडिल फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज गांधीनगर लोकसभा मतदारसंघांत तीन रोडशो करून रॅलीत उलोवप करतले. गांधीनगर लोकसभा सुवातेर भाजपाचे उमेदवार आशिल्ले श्री शाह फाल्यां आपलें उमेदवारी दाखल करतले.**

**श्री शाह अहमदाबाद जिल्ह्यांतल्या सनंद शारांत पयलो रोडशो आनी गांधीनगर जिल्ह्यांतल्या कालोल शारांत दुसरो रोडशो करतले अशें आमच्या खबराकारान कळयला. तांच्या तिसऱ्या रोडशोंत जे गांधीनगर लोकभा मतदारसंघाचे भाग आशिल्ल्या अहमदाबाद शाराच्या मुखेल वाठारांचो आस्पाव जातलो. मंत्री शाह अहमदाबाद शारांतल्या वेजलपूर वाठारांत वैचणुकेच्या रॅलींत उलोवप करतले. भाजपा फुडारी आनी केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अनुराग ठाकुर आयज गुजरातांत पक्षा खातीर प्रचार करतले. मंत्री ठाकुर आयज जामनगर शारांत रोडशो करून वेचणूक रॅलीत उलोवप करतले.**

**दुसरे वटेन गुजराताक भेट दिवपी पंजाबाचे मुख्यमंत्री भगवंत मान हांणी काल आप उमेदवार चैतर वासवाक तेंको दिवपा खातीर भरूचांत रोडशो केलो.**

**SAM-FIRST PHASE POLL 105**

**आसामांत पयल्या पांवड्यावेल्या वैचणुके खातीर मतदान कर्मचाऱ्यांक ईव्हीएम आनी हेर साहित्या मतदान केंद्रांचेर धाडपाचे काम सुरु आसा. राज्यांतल्या पांच मतदारसंघांनी फाल्यां पयल्या पांवड्यार वैचणूक जावपाची आसा. ह्या टप्प्यांत वह 35 उमेदवार वेचणूक रिंगणांत आसात. 86 लाखां वयर मतदार आपलो मतदान हक्क वापरतले. बायलां आनी दिव्यांग अधिकाऱ्यांनी वेवस्थापन करपा खातीर समर्पीत मतदान केंद्रां आसतलीं.**

पयल्या पांवड्याच्या वेचणुकेखातीर 14 जिल्ह्यांनी केंद्रीय अर्द लश्करी दळांच्यो 106 कंपनी तैनात केल्यात अशे राज्य पुलीस नोडल अधिकारी प्रसांत कुमार भुयान हांणी सांगलें. कसलीच वायट घडणूक घडची न्हय म्हणून आंतरराज्य शिमो पयलींच सील केल्यात अशें तांणी सांगले. केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ संवेदनशील मतदान केंद्रांचेर तैनात करतात अशी म्हायती श्री भूयान हांणी दिली.

मुखेल वेचणूक आयुक्त - १३०

मुखेल वेचणूक आयुक्त राजीव कुमार हांणी फाल्या जावपा आशिल्ल्या लोकसभा वेचणूकेच्या पयल्या पावड्यापयली मतदारांनी आपली लोकशायेची जापसालदारकी पूराय करताना हक्कान मतदान करचे, अशें आवाहन केला. ते आकाशवाणीकडेन उलयताले. लोकांच्या सक्रिय आस्पावाक लागून देशात नियमितपणान आनी सुरळीत वेचणुको जातात. वेचणुक हो लोकशाहीचो एक उत्सव आसा अशें सांगून मुखेल वेचणूक आयुक्तांनी तरुनाट्यांक वेचणुकेत वाटो घेवचो, अशें आवाहन हेवेळार केले. 85 वर्सा पिरायवेले मतदार आनी दिव्यांग मतदार घरा बसून मतदान करूंक शकतात, अशेंय मुखेल वेचणूक आयुक्तांनी म्हळे. सगळ्या मतदान केंद्रा तळमजल्यावर बांधल्यात आनी थंय पिवपाचे उदक, स्वच्छताघर, शेड, रॅम्प, व्हीलचेअर, हेल्पडेस्क तशेच स्वयंसेवकांची सोय केल्या, अशें मतदान केंद्रांवेल्या मूळाच्या सुविधांचो उल्लेख करताना श्री कुमार हांणी सांगले. ह्या गीमाच्या हंगानात लोकांनी सगली जतनाय घेवची अशेंय तांणी सांगले. मतदार उष्णतायेचेर मात करुन व्हडा संख्येन मतदान करतले, अशी आस्त लेगित हेवेळार मुखेल वेचणूक आयुक्त राजीव कुमार हांणी उक्तायली.

काश्मिर आतंकवादी हल्लो ५०

दक्षिण काश्मीरच्या अनंतनाग जिल्ह्यातल्या बिजबेहारा वाठारात काल आतंकवाद्यानी बिहारातल्या एका नागरिकाची हत्या केली. जम्मू-काश्मीरचे उपराज्यपाल

मनोज सिन्हा हांणी ह्या घडणूकेचो खर निषेध उक्तायला. जम्मू-काश्मीर नॅशनल कॉन्फरन्स- जेकेएनसीचे अध्यक्ष फारुख अब्दुल्ला आनी उपाध्यक्ष ओमर अब्दुल्ला हांणीय ह्या घडणूकेविशी दुख उक्तायले. पीपल्स डेमोक्रॅटिक पार्टी-पीडीपीच्यो मुखेली मेहबुबा मुफ्ती हांणी लेगित ह्या घडणूकेविशी दुख उक्तायले.

DIA-POPULATION: UN 100

लोकसंख्या अहवालाप्रमाण नट्रेन भारत संवसारांत पयल्या क्रमांकाचैर आसा. सद्याच्या अदमासा प्रमाण भारतांत 1.44 अब्ज लोक आसात. संयुक्त राश्ट्रांच्या लोकसंख्या निधीच्या (UNFPA) अहवाला प्रमाण चीन दुसरे सुवातेर आसा आनी तातूंत 1.425 अब्ज लोक रावतात. भारताचे लोकसंख्येचे वाडीचो संबंद समाजीक अर्थीक परिस्थितीत सुदारणा आनी देशांतल्या आवयच्या मरणाचें प्रमाण उणें जावपाकडेन जोडला. 2011 वर्सा केल्ले निमाणे जनगणने प्रमाण भारताची लोकसंख्या 1.21 अब्ज आशिल्ली. चीनाची लोकसंख्या 2022 वर्सा 1.426 अब्ज आशिल्ली पूण ती उणी जावपाक लागल्या असो संयुक्त राष्ट्र संघटनेचो अदमास आसा. ह्या शेंकड्याच्या शेवटाक चीनाची लोकसंख्या एक अब्ज सकयल दैवं येता असो अदमास तज्ञांनी उक्तायला. भारताची लोकसंख्या मात फुडल्या कांय दशकांत वाडत रावपाची आस्त आसा.

सीतारामन मिझोरम - ११०

मोदी सरकारान फाटल्या १० वर्सात उत्तर-पूर्व राज्यांखातीर खूपशे उदरगत प्रकल्प सुरु केले अशें मिझोरामच्या एका लोकसभा सुवातेखातीरच्या प्रचाराच्या निमण्या दिसा, भाजप फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगले. आयझॉल हांगा जाल्ल्या पत्रकार परिषदेत त्यो उलयताल्यो. मिझोरमात फाटल्या १० वर्सात खूपशे मुळावे सुविधा प्रकल्प सुरु केले. मिझोरामखातीर अजून खूप किदे करपाची येवजण आसा अशेंय तांणी सांगले. म्यानमारात सध्याची परिस्थिती लक्षांत घेवन खबरदारीचे उपाय आखल्यात अशें फ्री मूव्हमेंट रेजिम-

एफएमआरचो संदर्भ दितना तांणी सांगले. श्रीमती सीतारामन हांणी सिया जिल्लो मुख्यालयाक भेट दिली आनी लोकांकडेन संवाद सादलो. मिझोरमात 19 एप्रिलाक मतदान जातले. आठ लाखांपरस चड मतदार हेवेळार मतदान करतले. ह्याखातीर एक हजार २७६ मतदान केंद्रा तयार केल्यात आनी स उमेदवार रिंगणात आसात.

टेनिस-३०

बार्सिलोनात चलतल्या बार्सिलोना ओपन टेनिस सर्तीत राफेल नदाल अॅलेक्स डी मिनौरआड सरळ सेटात हारील्ल्या ह्या सर्तीतल्यान भायर पडलो. चौथ्या मानांकित डी मिनौर हांणे नदालाक हारोवन तिस-या फेरीयेत पावल घाले.

आयपीएल - ७०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल अहमदाबादेत जाल्ल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक 6 गड्यांनी हारयले. गुजरात टायटन्स पंगडाचो डाव १७.३ ८९ धावांत सोपलो. राशिद खान हांणे सगळ्यांत चड 31 धावंड्यो केल्यो. आयपीएलमधील गुजरातची ही सर्वात कमी धावसंख्या आहे. दिल्ली कॅपिटल्सच्या मुकेश कुमार हांणे तीन गडे बाद केले. 90 धावंड्यांचे मोख दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान ८.५ षटकात चार गडे वगडावन हुंपले.

आयज चंदीगडात पंजाब किंग्ज आनी मुंबई इंडियन्स पंगडामदी जातलो. हो खेळ सांजे 7.30क सुरु जातलो.